राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो २०.१०२०२५ @ 7.20 pm

- देशभरात आज पारंपारिक उत्साह आणि उमेदीन दिवाळी मनयतात
- गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू आनी  मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी समेस्त गोंयकारांक दिवाळेची परबी भेटयल्या
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिवाळेची परब मनोव्पाक  गोंय आनी कारवार दर्यादेगांचेर तैनात आशिल्ल्या आय एन एस विक्रांताक भेट दिली आनी नौदळांच्या जवानावांगडा दिवाळी मनयली
- गोयच्या बायला पगदान सिनियर t20 क्रीकेत सर्तीत मोहिमेच्या सामोरोपात आसामाक ७१ धावडयांनी हारायले
- राज्यात आज गडगड आणि विजे सयत  हल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

------------------------------------------------

दिवाळी

देशभरात आज पारंपारिक उत्साह आणि उमेदीन दिवाळी मनयतात. बऱ्याचो वाईटाचेर विजय दर्शवपी ही परब घरां, देवळां  आनी हेर भौशिक सुवानांनी रोषणाय करून मनयतात. यानिमित्त लोक संपत्तीची देवी लक्ष्मीचीय पूजा करतात. विगडविंगड शारांतले रस्ते आणि बाजारपेठा रंगीबेरंगी दिवे आणि फुलांनी सजयल्यात. गोयात पुराय सुवातानी नरकासुर प्रतिमा उब्यो केल्यो आनी सर्तीय जाल्यो. फांतोडेर श्रीकृष्णाच्या हातातल्यान प्रतिकात्मक वध म्हणजे प्रतिमा जाळल्या उपरात न्हावन धुवन देवळात देवदर्शन करून गोड फोव चणे उसळ आंब्बाड्याचे सांसव बी खावन एकामेकांक शुभेच्छा दिवन गोयकारांनी दिवाळी मनयली

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी दिवाळी निमित्त उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना दिल्यो

-------------------------------------------------

राज्यपाल

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दिवाळीच्या शुभ आनी उमेदीच्या सणाची गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी सणाविशीं लाखांनी लोकांच्या काळजात खासा स्थान आसा. दिवाळी सण उजवाडान काळखाचेर, ज्ञानान अज्ञानाचेर आनी सद्‌गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दिवाळीच्या सणानिमतान कुटुंबां एकटाय येतात, दिवें आनी कंदील पेटोवन घरांनी रोशणाय करतात आनी समाजात हो सण व्हडा उमेदीन आनी भक्तिभावान मनयतात. हो सण फकत खुशालकाय मनोवपाचो न्हय, जाल्यार आमचो सांस्कृतीक दाय्ज आनी दया, एकजूट आनी सलोख्याच्या मुल्यांचो उगडास करपाचोय सण आसा. गोंया सारख्या विविधताय आनी गतीशील राज्यांत दिवाळीच्या सणानिमतान सगळ्यां समाजांमदी भावपण आनी शांतीकायेची भावना दिसून येता. दिव्यांच्या ह्या सोबीत उत्सवाच्या प्रसंगार हांव सगळ्यां लोकांक समाजाखातीर सकारात्मक योगदान दिवपाचो आनी गोंय आनी राष्ट्राखातीर पर्जळीत, अदीक आस्पावीत आनी शाश्वत फुडार निर्माण करपा खातीर एकवटान काम करपाचो उलो तानी मारला. दिवाळीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी सुख-समृध्दी घेवन येव, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणला

-------------------------------------------------

CM

गोंयचे मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी समेस्त गोंयकारांक दिवाळेची परबी भेटयल्या. दिवाळेच्या परबे निमतान व्हॉकल फोर लोकलची भावना जागृत करून स्वदेशी आपणावया आनी खऱ्या अर्थान गोंय स्वयंपूर्ण करुया असो उलो मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी मारला.- दिवाळी हो उत्साहपूर्ण सण, जो उजवाडान

काळखाचेर आनी सद्गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. रावणाचो वध करून श्रीराम ह्या दिसा अयोध्येत परतलो. जनतेन दिव्यांची रोशणाय करून श्रीरामाक येवकार दिलो. दिवाळीचो उत्सव समाजात शांतीकाय, भावपण आनी जातीय सलोखो वाडोवपाक लोकांक उर्बा दिता दिव्यांचो उजवाड लोकांच्या जीणेतलो काळोख पयस करता.दिवाळीचो सण मनयतना आमी राज्याच्या कोनशा-कोनशाक गिज्ञानाचो उजवाड पसरावया. "आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय" चे उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर लोकांनी थळावीं उत्पादनां खरेदी करपाक प्राधान्य दिवचे आनी राज्याच्या उदरगतीक हातभार लावचो.

दिवाळीचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत नवी ऊर्जा आनी खुशालकाय घेवन येव. एकवटाच्या भावनेन दिवाळीच्या उजवाडान लोकांची मनां-काळजां प्रकाशमान जाव , अशें मुख्यमंत्री म्हणला byte

---------------------------------------------------

मोडी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिवाळेची परब मनोव्पाक गोंय आनी कारवार दर्यादेगांचेर तैनात आशिल्ल्या आय एन एस विक्रांताक भेट दिली आनी नौदळांच्या जवानावांगडा दिवाळी मनयली. प्रधानमंत्र्यांच्या हाजरीन नौदळाचे जवान उत्साहीत जाल्ले. नौदळाच्या जवानांक प्रधानमंत्र्यांनी मिठाय भरयली आनी भारतीय जवानांच्या अदभूत शौर्याची तोखणाय केली. देशाचे वीर जवान म्हजे कुटुंब आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जवानांक संबोधीत करताना सांगले. ऑपरेशन सिंदूर वेळार तिनुय संरक्षण दलांमधल्या असाधारण समन्वयान पाकिस्तानाक शरणागती पत्कराची पडली अशे प्रधन मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला byte सिंदूर मोदी हाणी म्हणाले की आजचो दिस अद्भुत आसा कारण एका वटेन दर्या आसा आणि दुसऱ्या वटेन भारतमातेच्या शूर सैनिकांची ताकद. दर्याच्या उदकार सूर्याच्या किरणांचो प्रकाश शूर सैनिकांनी लायिल्ल्या दिवाळीच्या दिव्यांसारको आसा अशे

तानी म्हणले आता हेर देश भारता कद्च्यान शस्त्रा खरेदी करपाक सोदता अशे तानी सांगेल  byte defence

-------------------------------------------------

Subhash

फोंडेच्या स्वामी विवेकानंद वाणिज्य महाविद्यालयान , अखिल गोंय पातळेचेर आंतर उच्च माध्यमिक वक्तृत्व सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त १३ नोव्हेंबराक महाविद्यालयाच्या सभाघरांत जातली. डिजिटल उपकरणां वापरपा विशीं विद्यार्थ्यां मदीं जागृताय निर्माण करपाच्या हेतान ही सर्त घडोवन हाडल्या अशें शाळेचे प्राचार्य प्राध्यापक अच्युत पेडणेकार हांणी सांगलें. कृत्रिम बुध्दी आनी मनीस, समाज आनी कृत्रिम बुध्दी, समाजीक नदरेन कृत्रिम बुध्दीचो परिणाम, कृत्रिम बुध्दी आनी मनीस संबंद, कृत्रिम बुध्दीचो वापर, कृत्रिम बुध्दीचेर अंधश्रध्दा, अशे ह्या सर्तीचे विषय आसात.

-------------------------------------------------

सुभाष

राज्य सहकार खात्यान राज्यातल्या सगळ्या सहकारी संस्थांक, आप मजत गटांक , महासंघाक , आनी संबंदीत संस्थांक बायलां आनी चलयांची भलायकी आनी उदरगत सादपाक राष्ट्रीय भलायकी मिशन चालीक लावपाक नेटान वावुरंचे अशें मांगलां. सहकार निबंधक आशुतोष आपटे हांणी जारी केल्ल्या परिपत्रकांत खात्यान ह्या गटांक राज्यभरांतल्या सरकारी भलायकी सुविधांनी जावपी फुकट भलायकी तपासणेंत वांटो घेवपा खातीर बायलां आनी तरण्या चलयांक एकठांय हाडपाची सुचोवणी दिल्या.सहकारी संस्थांक आनी SHGक पंचायती, भलायकी अधिकारी, आशा आनी ANM समुदाय भलायकी सेवक, आनी अंगणवाडी हांचे वांगडा काम करपाक सांगलां, जाका लागून चडान चड लोकांमेरेन पावतले.

-------------------------------------------------

वैष्णव

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव यांनी आज आनंद विहार रेल्वे स्थानकाची अचानक पलोवणी केली आनी सणासुदीच्या काळात प्रवाशांची सुरक्षितता आणि सुविधा सुनिश्चित करपाक ही भेट आशिल्ली. पत्रकारांकडे उलयताना वैष्णव हाणी म्हणाले की, सणासुदीच्या काळात प्रवाशांची गर्दी कमी करपाक विशेष व्यवस्था

केल्या. वैष्णव यांनी लोकांक रेल्वेच्या कामकाजा संबंधित दिशाभूल करपी व्हिडिओ प्रसारित करचे न्हय  आणि शेअर करू नये अशे आवाहन केले कारण ते प्रवाशांमदी गोंधळ निर्माण करतात. त्यांनी सांगले की, सोशल मीडियार रेल्वेबद्दल फटीचे व्हिडिओ प्रसारित करण्यांचेर कडक कारवाई सुरू केल्या By te

-------------------------------------------------

प्रसाद

भारतीय किसान संघाची शिरोडा ग्राम समिती 22 ऑक्टोबराक दिवाळे-पडवाच्या दिसा तरवळे-शिरोडा हांगा गोपूजन करतले.सकाळीं ९:०० वरांचेर तरवळेच्या ग्राम समितीच्या अध्यक्ष सुजय प्रभुदेसाय हांच्या घराकडे, गाय आनी म्हशींक तेल आनी उदकान न्हाण, योग्य उपासना, धूपा दीपा वांगडा पूजन करतले. ह्या गोपूजन कार्यावळींत वांटो घेवपाची इत्सा आशिल्ल्या दुदाचे शेतकार, शेतकार इश्ट आनी गाय मोगींक सकाळीं 9:30 मेरेन हाजीर रावपाचें आवाहन केलां.

-------------------------------------------------

डेस्क

श्रमधाम कार्यावळी अंतर्गत आवेडे - कोठंबी गांवांत १५ दिसा भितर आनंद प्रभुदेसाय हांचे घर उबारले. गोंयचे सांस्कृतीक मंत्री रमेश तवडकर हांणी श्रमधाम ही चळवळ सूरु केल्या जी सुर्वेक काणकोण मतदार संघात सुरू जाल्ली. येत्या जानेवारी २०२६ त १०० घरांचो बुनियादी फातर बसयतले.

-------------------------------------------------

**Sports**

गोयच्या बायला पगदान सिनियर **t** 20 क्रीकेत सर्तीत मोहिमेच्या सामोरोपात आसामाक ७१ धावडयांनी हारायले

-------------------------------------------------

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 3 3डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात आज गडगड

आणि विजे सयत  हल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

---------------------------------------------------